पिकी पिकी काजुले

कोंकणी विभाग
पार्वतीबाई चौगुले महाविद्यालय
मडगांव गोंय

Parvatibai Chowgule College of Arts and Science 1962-2012

वर्स 21-22 अंक 05

एप्रील 2022

उमेदींत लिकलिकत, आयले चोंब्यानी काजुले
आंगानआंग पर्जळ्ळे कोंकणी साहीत्याचे मळे.

# आधुनीक कोंकणी साहित्याचो शिल्पकार शणै गोंयबाब



### भितरल्या पानांर -

मळबगंगा 02

परमळ 03

उजवाड नखेत्रांचो 04

## चरित्रकार शणै गोंयबाब

शणै गोंयबाब उर्फ वामन रघुनाथ वर्दे वालावलीकर, कोंकणीच्या उदरगती खातीर वावुरपी आनी कोंकणी भाशेक लिखीत पांवड्यार व्हरून बसोवपी एक युगपुरुष, कोंकणी साहित्याक लाभिल्लें रत्न म्हणल्यार शणै गोंयबाब, शणै गोंयबाब भाशेखातीर फक्त भाशा म्हणून न्हय तर भाशेवरवीं समाजाची सगळे वटेन उदरगत जावची हया हेतून वावर करताले. ते म्हणटाले "कोंकणी भास आमी अशे तरेन फुलोवंया की सकयल्ल्या पांवड्यासाकून ते वयल्या पांवड्यामेरेन उलोवपांत तशी बरोवपांत ती सगळ्यांक सारकी समजुंक जाय. वयली भास आनी सकयली भास, पंडिती भास, गावडी भास अशे तिचे वांटे जावंक जायनात. आमी गावड्यांक पंडित करूंया आनी सगळेच पंडित जावंया आनी कोंकणी भाशेचें पूर्ण स्वराज्य भोगूंया". शणै गोंयबाब हे ज्ञानाचें भंडार, तांच्या लिखणींतल्यान तांच्या वेगवेगळ्या रुपांचें दर्शन घडटा ते केन्ना कथाकार जातात, केन्ना नाटककार जातात, इतिहासकार जातात तर केन्ना चरित्रकार.

व्यक्तित्वाच्या सत्यपूर्ण वृत्तीक चरीत्र अशें म्हणटात. शणै गोंयबाब चरित्र बरयतना त्या मनशाच्या वेगवेगळ्या सभावगुणांचेर, जिवितांतल्या घडामोडींचेर तशेंच आंतरिक सत्याचेर प्रकाश घालतात. चरित्र बरयतना फक्त गूणच न्हय तर त्या मनशाचे दोश लेगीत वाचप्यां मुखार येवपाक जाय हें ते सदांच लक्षांत दवरतात. तांणी बरयल्लीं दोन चरीत्रां म्हणल्यार 'पुण्यात्मो राम कामती' आनी 'आबे फारीय'.

'पुण्यात्मो राम कामती' हो मुळ कुंडयचो म्हणून मरणाचो दाखलो दीत शणै गोंयबाब बरयता. 1680-1758 मेरेनच्या राम कामतीच्या जिवीताचें चित्रण हांगा केलां. राम कामती हो व्यापारी आनी ताचो गडगडपी व्यापार, ताची संवेदनिशलता, दुसऱ्याविशींची ताची काळजी, दुसऱ्याक वेळाकाळार पावपाचो ताचो सभावगूण शणै गोंयबाबान प्रसंगा कणकणी दाखयला. राम कामती हे तरसाद चलोवपीय आसले तांकां 17व्या शेकड्यांत सगळ्या देशी सैन्याचो सेनापती नेमलो तशेंच राम कामतीचें कुळ, मुळ, तागेले विचार, कतृत्व, इंग्रजांच्या हातासकयली पराधिनता, क्षमता आसून उपेग करूंक नाशिल्ली बुध्दी हाचो आस्पाव हया जिणेंत जाल्लो दिसता.

'आबे फारिय' हया गोंयच्या सुपुत्राचें नांव विश्वांतल्या वैज्ञानीक संशोधनात गौरवान घेतात. पंदरा वर्साच्या पिरायेर बापूय ताका लिस्बनाक घेवन गेलो, थंयच्यान रोमाक गेलो. थंय ताणी देवविद्येची शास्त्री ही पदवी जोडली. ताच्या घणघणीत उजवाडाची न्हिद हाचेर संशोधन हाचें विस्तारान वर्णन शणै गोंयबाबान केलां. आबे फारियाची जीण सगळ्यांनी देख घेवपासारकी. वैज्ञनिक सोध लावप सोपें काम न्हय हे फक्त आबे फारिय सारक्या मनशाकच जमपाचें.

शणै गोंयबाबान दोनय चरित्रांनी केल्लें संशोधन, तांचेखातीर केल्ले अथक प्रयत्न पळयल्यार कळटा की बरोवपी समाजाकडेन प्रतिबध्द आसा. तांच्या लिखणींतल्यान आबे फारीय अज्रंवर उरले. राम कामती इतले हुशार आसून लेगीत ते इंग्रजांच्या बंदखणीत मेले. हाचें दुख शणै गोंयबाब उक्तायता. हीं दोनय चरित्रां वाचतकच होय साहित्य प्रकार शणै गोंयबाबान बरे तरेन हाताळ्ळा हें दिसून येता.



साईशा शेट शिरोडकार , पयलें वर्स

**संपादक मंडळ:**

संपादक- शिवानी श्रीहरी वेरेंकार

उपसंपादक - ग्लिनीस डायस

मार्गदर्शक – डॉ. गुणाजी सदानंद देसाय

# उजवाड नखेत्रांचो

## शणै गोंयबाब - एक कथाकार

शणै गोंयबाब हांकां कोंकणी भाशेचो पयलो कथाकार अशें मानतात. तांणी कथा, कविता, नाटक, निबंद, व्याक्तीचित्रणां, भुरग्यांसाहित्य हे सगले साहित्यप्रकार केळयल्यात. तांच्या गोमनतोपनिषद' ह्या पुस्तकांत एकूण पांच कथा आस्पावल्यात.

तांतूंतली पयली कथा म्हणल्यार 'म्हजी बा खंय गेली?' हे कथेंत ना ना म्हूण जाल्लो भुरगो. ताची आवय वायदमन जाल्ल्याचें निमित्य जावन अचकीत मरता. जाण्टीं मनशां बाबुल्याक कांय सांगिनांत. तो हट्ट करता. तेन्ना बा देवागेर गेल्या म्हूण सांगतात. मागीर म्हाका घेनासतना कशी गेली तर ? हो बाबुल्याक प्रस्न पडटा. तो देवाकडेन झगडटा. तरीय पूण बा येना म्हणून तो होळप काडून रडटा. आजी सांगता देवागेर गेल्लीं मनशां परतीं येनात. तेन्ना बाबुलो ती म्हजेसरीं येना जाल्यार हांव तिचेसरीं वतलों म्हणटा. आवयचो ध्यास घेता. जेवना-खायना. हांतरुणार पडटा आनी अखेरेक 'म्हजी बा, म्हजी बा म्हणीत प्राण सोडटा. अशी ही दोळ्यांत दुखां हाडपी कथा. दुसरी कथा 'बाबूमामालो पणस'. हे कथेंत एका झाडाची भावनां आमकां गोंयबाब दाखोवपाचो यत्न करता. बाबूमामालो पणस आसता ताका दर वर्सा सगळ्या आदीं पणसुलां लागतालीं. बाबूमाम ताचीं पणसुलां काडटालो तेन्ना त्या पणसाक खूब दूख जातालें पूण झाडांक आपणाक दुख जाता म्हण सांगपाक तोंड आसना. ताचीं पणसुलां काडटात तेन्ना बाबूमामाल्या पणसाक खूब दूख जाता. ताचो दिंक व्हांवता, जशें मनशांक तांबडें रगत आसता तशें झाडांचो धवो दिख तांचें रगत. आमी मनशां जेन्ना झाडां कापतात तेन्ना तांकांय दुख जाता. तीं आपल्यो भावना दाखोवंक शकनात. आमी मनशांनी तांची भावना समजूंक जाय अशें हे कथेंत सांगपाचो यत्न केला.

तिसरी कथा 'वासशणैली पोपाय'. हे कथेंत आमकां एके पोपायेची आपजीण पळोवंक मेळटा. वासशणैल्या पोरसांत वंयेक तेंकून बांयकडेन एक पोपाय आसली. ती सुमार वीस मुंडे हात उंच वाडिल्ली. तिका आडवो खांदो असो एकूय नासलो. शेंड्यावयल्या दांडाऱ्यांनीं ती मोटे व्हडलें उबें सत्रेसारकीच दिसताली. दांडाऱ्यां मजगतीं तिका ल्हान-व्हड कुचकुचीत पोपायो लागिल्ल्यो. एक दीस ती पोपाय मुळांतल्यानच हुमटून पडली ढो.. करून सकयल जमनीर आदळनाफुडें तिचें आंग चिड्डलें, तिचे दांडारे मोडले, पोपायो तुटल्यो आनी रगताचो व्हाळ कसो चळचळीत दीख व्हावंक लागलो. आपल्या भुरग्यांक आतां वासुबाबाच्यो सुनो खातल्यो असो तिचेर आकांत आयलो. आपलें आतां कितें जातलें? देवान आपल्याकडेन अशें कित्याक केलें?, अशे तरेन ती पोपाय देवाक शिणूक लागली. मनशांच न्हय, तर झाडां सूद्दां देवाक कशीं शिणटात तें हे कथेंत सांगलां. चवथी कथा 'खर्णवीर'. हे कथेंत आमकां खर्णविराची काणी वाचपाक मेळटा. खर्णवीर संवसारांत आसतना मनशांक कसो सतायतालो आनी मेल्या उपरांत यमराजाले मानाय खर्णविराचो प्राण व्हरूंक येता. तो यमराजा मेरेन पावल्या उपरांत आपूण कित्याक सर्गार वचूंक शकना. रावण आनी आपल्या सारके हेर पातकी मनीस सूद्दां सर्गार पावले. आपूण कसो वचूंक शकना हो प्रश्न तो यमराजाक विचारता. शेवटाक यमराजाचे काळेकीट वेताळे मानाय राजू घेवन थंय पावता. तें ताका बांदून घालतात आनी नर्क लोकांत व्हरतात आनी थंय जायतो वळवळावन निमाणे ताका फावो जाल्ल्या सासणाच्या काळोख-गुपाटांत उडयतात. पांचवी कथा 'पितुबाबालो तांब्यापटो'. हे कथेंत पितुबाब हो बऱ्या स्वभावाचो मनीस. पितुबाबाचो तांब्यापट्टो आशिल्लो. पितुबाबान पट्यांत चित्रायलो मनीस ह्या सातशीं वर्सांत अजून कोण जावंक ना आनी तागेली तस्त्रीप कोणाकूच मेळूंक पावली ना अशें बरोवपी म्हणटा.



**मेक्झिला मिरांडा**

**तिसरें वर्स**






## नाटककार शणै गोंयबाब

शणै गोंयबाब हांचो जल्म 23 जून 1877 ह्या दिसाक दिवचले जालो. भुरगेपणासाकून ते बुद्दीन हुशार, आनी समजीकायेचे आसले. तांणी साहित्याचे जायते प्रकार केळयल्यात. सकयल तांणी बरयल्ल्या नाटकांचें विवेचन केल्लें आसा.

तांचीं तीन नाटकां आसात तीं अशीं.

**मोगाचें लग्न, पोवनांचें तपलें, आनी झिलबा राणो.**

मोगाचें लग्न आनी पोवनाचें तपलें हीं फ्रेंच भाशेंतल्या मोलीयेराच्या नाटकां वयल्यान बरयल्यांत. तर 'झिलबा राणो' हें नाटक अरेबियन नाइट्सांतलें अबू हसनाचे काणयेच्या आदारान बरयलां.

**मोगाचें लग्न**

हो मुळांतच एक हांसोवणो खेळ. ताका पुरायेन गोंयचो भेस चडयल्ल्यान कोंकणी मनशाक तो आपलोच दिसता. तातूंत एका धरून मारुन केल्ल्या वैजाकडल्यान आमच्या लोकांच्या धोंगापोंगांचेर उजवाड घातला. मोगाचें लग्न हातूंत मारुन, धपकावन वैज केल्लो बाबगो खरोच वैज जाल्लेवरी उलयतना मदींच मनशाचें काळीज उजवे वटेन आसता अशें उलोवन वता. घारुदाद आपलें काळीज सांसपून घेता. बाबगो म्हणटा आपलें काळीज 'तें खरें गा' पूण वायटकाराचें काळीज वैजाच्या उजव्या हाताक आसता न्हय म्हूण तें उजवें वटेन आसता अशें म्हणपाची आमची वैजांची चाल आसा. अशे तरेन बाबगो घारुदादाक समजायता. ह्या खेळांनी वावुरपी म्हालखूम, बाबगो, घारुदाद, तातूबाब, म्हाळूभट, नागण नायक, नोनेबाब, देवकी, सुंदरें, कामणें हीं सगळीं संवंगां आदल्या काळार गोंयांत जायते कडेन दिसतालीं. तीं गोंयकारांचे सामकी संवकळीचीं. त्या भायर ह्या खेळांनी कोंकणी मनशाची कुरु सांगपी जायत्यो गजाली आसात. तातूंत गोंयकारांचीं आडनावां आसात, तिट्यावयल्या मुड्डशांची गांथन आसा, लग्नाक लागतली वर-दक्षणा, माटव-म्हेड, फोग, कलवंतां, गांव-जेवण, भट, वाजंत्री, मदलस हाचे वयल्या खर्चाचो अदमास कळटा, काल्या-जात्रांतलो घडघडो आसा, तिसरे सावन कुल्ल्यांमेरेन आनी कल्ले सावन चणका मेरेनच्या सगल्या नुस्त्यांचीं नांवां आसात आनी खतखत्या सावन हुड्डमेथये मेरेनचे जेवणाचें सगळे सुवादीक जिनस आसात.

पोळये- पीठांचे तरेकतरा प्रकार आसात, फळाराच्या जिनसांची वळेरी आसा, भांगराच्या तरेकवार वस्तींची वळख आसा. त्या भायर साळगांवचीं कणगां, जुव्यांची शाकभाजी, मैड्यांचीं केळीं, म्हापशेंचो फोग, पणजेचें मुज्ग, कवळेंचो चौघुडो अशा गोंयच्या वेगवेगळ्या वाठारांतल्या म्हत्वाच्या थळाव्या वस्तूंची नोंदय तांणी करुन दवरल्ल्यात.

**झिलबा राणो**

झिलबा राणो ह्या नाटकांत गोंयचें वातावरण उबें केलां. प्रजेचें सूखदूख आनी अडचणी जाणा जावूंक आनी प्रजेचो वेव्हार कशे तरेन चलता तें खासा ताच्या दोळ्यांनी पळोवपाक राजा ताचो भेस बदलून राज्यांत भोंवता. तेन्ना तो एका भोळ्या भावार्थी मनशागेर पावता. ताचें उलोवणें आयकून ताका न्हिदेची गुर्मी दिवन राजम्हालांत व्हरता. आनी एका दिसा खातीर ताका राजा करता. तातूंतल्यान उप्रासलेल्या घडणुकांनी हें नाटक रचलां.

**पोवनांचें तपलें**

ह्या नाटकांत तातुबाब नांवाचो, किर्वटीक बरी गांठ आशिल्लो एक मनीस हिमटेपणान दीस काडून निमाणेकडेन कसो धनर जावन पिशाची बडबड करता ताचें नाट्य रचलां.



**चांदनी बोरकर**



# परमळ

## कादंबरीकार शणै गोंयबाब

शणै गोंयबाब म्हणल्यार आर्विल्ल्या कोंकणी साहित्याचे जनक. साहित्यकार शणै गोंयबाब म्हण तांणी खूब नामना जोडली. कोंकणी भाशेक लिखीत भाशेच्या पांवड्यार व्हरपी ते एक युगपुरूष. तांणी बरयिल्लें साहित्य फक्त संख्यात्मक नदरेनूच न्हय तर गुणात्मक नदरेन लेगीत म्हत्वाचें. भाशेचें मुळावेंपण उतरांची गिरेस्तकाय, वाक्य रचणुकेची खाशेली तरा विशयांचें वेगळेपण व्याकरणीक बांदावळीचें आकर्शक स्वरूप ह्या सगल्या गुणांक लागून तांचें साहित्य कोंकणी भाशेच्या लिखित रूपाची बुन्याद घालपी थारलां. शणै गोंयबाबान बरयिल्ली नवलिका म्हणजेच 'संवसारबुटी' (1933). ताच्या गोमन्तोपनिषत् खंड दुसरो हातूंत आस्पावलां. हें आधुनीक कोंकणी नवलकाणयेचें मुळावण घालपी अशें बरप. ह्या नवलकाणयेंत शणै गोंयबाबान बरयलां की मनशान संवसारांत जल्माक येवन आपली पवित्र भूंय आपल्या पापांन, वायट कर्तुबांनी नश्ट केली .फक्त एकूच मनीस आसता जो देवाचे सगळें आयकतां आनी दुसऱ्याक सुध्दा बऱ्या मार्गार चलपाक सांगतालो तो म्हणजे नोये प्रजापती. देवान धर्तरेर बुट्टी हाडचे पयलीं ताका आनी ताच्या कुटुंबाक सुरक्षीत जाग्यार दवरलेले. ताकां खाण जेवण ह्या सगळ्याची सुविधा करून दवरली आनी मागीर बुट्टी हाडली. मनीस कोणाचें कांय आयकना, देवाची देख मानना, वायट कामां करता हाचें पिकासांव जावन देवान हे धर्तरेर बुट्टी हाडली. पुराय सृश्टीचेर उबगून ती काबार करची ह्या हेतून हाडिल्ले संवसार बुडटेन मेल्ले जिवात्मे बोबो मारीत मार्गांत चलतात. ह्या बुट्टेंत जनावरां, सवणीं, झाडां आनी मनशां सगळी बुडून मरतात. कांय लोक तर शेवट मेरेन पयशे आनी भांगरां घेवन आपलो जीव वाटावपाचो प्रयत्न करतात पूण तशें जायना .जेन्ना देवदुत तांकां व्हरपाक आयलो तेन्ना त्या आत्म्यानी तांकां प्रश्न केलो की नोये प्रजापतीक कित्याक बुडोवना .इतलेच न्हय तर आनीकूय प्रश्न जायत्या जाणांनी तांका विचारले आनी देवाचो गुन्यांक करपाक लागले .तातुंतल्या वेंचीक बारा आत्म्यांचें आत्मकथन करताना तांचें प्रवृत्तीदर्शन आमकां हे नवलकाणयेंत घडटा. देवदुताकडेन जाल्ली ह्या आत्म्यांची भासाभास म्हणल्यार अर्थशून्य' प्रतिवाद' न्हय. समाजाचें प्रतिक रूपांतलें दर्शन पाळण्यांतल्या भुरग्यांक म्हालखूम धरून ते हुनीरमाम, वेपाऱ्याचो कारभारी, दिसावडेकार, मानायाचो पोर, राजाचो जांवय, म्हालो, शेट, ज्योतिशी, मडवळ आनी निमाणो बामण, अश्या विंगड विंगड जात, धर्म, अवस्था, रानटी वृत्ती- प्रवृत्तीचें चित्रण हे नवलकाणयेंत वाचूंक मेळटा. आयचे भशेन धर्मकोल्लाच्यो पालख्यो नाचोवपी धर्मकोल्ली राजाचेंय रूपडें थंय ते नवलकाणयेंत पळोंवक मेळटा. सगळे जाण आपआपल्यो मांडण्यो देवदुतांकडेन केले उपरांत बामण जें प्रदीर्घ उलोवप करता, तातुंतल्यान जिवीतांतलें वास्तव सत्य आनी संवसारांतल्यो कल्पना हांचें स्पश्टीकरण जाता. मेल्या उपरांतचो सर्ग, नरक, देव आदी कल्पनांचें वास्तव चित्रण हे नवलिकेंत शणै गोंयबाब मांडटना दिसता.



**संजना नाईक**

**तिसरें वर्स**

## शणै गोंयबाब – वळख

शणै गोंयबाब हांचें पुराय नांव वामन रघुनाथ वर्दे वालावलीकार. तांचो जल्म 23 जून 1877 ह्या दिसा दिवचले गांवांत जालो. गोंयांत तांणी सेगुंदग्राव ह्या पुर्तुगेज परिक्षेंत पुराय बार्देस म्हालांत पयलो येवपाचो भोवमान जोडलो. घरचें परिस्थितीक लागून तांकां फुडलें शिकप घेवपाक जमलें ना. देखून तांणी घराकडेनच इंग्लिश आनी संस्कृत भासांचो अभ्यास स्वाध्याय पध्दतीन सुरू केलो. तांणी आपल्या अर्थपूर्ण जिणेच्या मध्यमांतल्यान आपल्या कर्तुत्वांतल्यान आनी साहित्यांतल्यान निश्ठा, प्रमाणिकपण, स्वभाशेचो स्वाभिमान आनी जगपाचो विश्वास दिलो. तांणी निबंद, नाटक, कथा, काणयों, व्यक्तीचित्रणां, नवलकाणी सारके साहित्य प्रकार केळयल्यात. तांणी भुरग्यांखातीर लेगीत खेरीत साहित्य तयार केल्लें आसा. तांतूंलीं कांय पुस्तकां म्हणल्यार: 'भुरग्यांलो इश्ट' (1935), 'कोंकणी पयलें पुस्तक' (1939), 'भुरग्यांलें व्याकरण' (1941), 'कोंकणी मुळावें पुस्तक'. तांच्यो फामाद कथा म्हणल्यार 'म्हजी बा खंय गेली'?, 'बाबुमामालो पणस,' 'वासूशणैली पोपाय', 'पितुबाबालो तांब्यापटो' आनी 'खर्णवीर'. तेच तरेन 'मोगाचें लग्न' 'पोवनाचें तपलें' आनी 'झिलबा राणो' हीं फामाद नाटकां. अशे तरेन शणै गोंयबाबांनी साहित्याच्या सगळ्याच मळावेल्यान बरप करून कोंकणीक तिचो मानाचो पाट मेळोवन दिलो. तशेंच कोंकणी भाशेक साहित्यीक भास म्हण घडोवपांत तांचो वांटो आशिल्ल्यान तांकां आर्विल्ल्या कोंकणी साहित्याचो जनक अशेंय मनतात.



**क्रायफ पेरेरा तिसरें वर्स**